**राज्यपालांची फाल्या साश्ट आनी काणकोण तालुक्यात भेट**

ता. 26 नोव्हेंबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई  फाल्या ता. 27 नोव्हेंबर 2021 दिसा साश्ट आनी काणकोण म्हालांत भेट दितले. राज्यपाल सकाळी 9.30 वरांचेर मडगांवच्या रवींद्र भवनांत गोंय क्रांती दिसाच्या 75व्या वर्स कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले. उपरांत सकाळी 11.00 वरांचेर वालेन्तिना लिटल हेव्हन, कोलवा, दनपारां 12.00 वरांचेर फातमा आसरा, बाणावली हांगा भेट दितले.

राज्यपाल सांजेच्या 4.00 वरांचेर माताजी मंदिर विद्यार्थी वसतीघर, काणकोण, सांजेच्या 4.30 वरांचेर परशुराम विद्यार्थी वसतीघर, काणकोण, सांजेच्या 5.00 वरांचेर सेवा संकल्प, लोलये काणकोण आनी 6.30 वरांचेर पर्तगाळी मठाक भेट दितले.

राज्यपाल आपल्या भेटीत आसरा घरांक अर्थीक मजत भेटयतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/994

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji